1.02.2025 @ 7.20 pm

आकाशवाणी पणजीच्या प्रादेशिक

मुखेल खबरो

१.आयज अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण हांणी अर्थसंकल्प सादर केलो

२. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणा खाला अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण हांणी सादर केल्ल्या विकसीत भारत 2025 अर्थसंकल्पाक हांव पुराय मनान येवकार दितां अशें डॉ. प्रमोद सावंत हांणी.

३. गोवा सारस्वत समाजातर्फे आयोजित सारस्वत अन्न आणि संस्कृती महोत्सव ७ ते 9 फेब्रुवारी या कालावधीत मडगाव जातलो

--------------

Ganesh 110

केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण हांणी सादर केल्ल्या अर्थसंकल्पांत 12 लाख रुपया मेरेन उत्पन्न आशिल्ल्या व्यक्तींक आयकरांतल्यान सुट मेळपाची घोशणा केल्या. हाका लागून मध्यमवर्ग सशक्त जातलो. हाका लागून चड बचत जातली आनी गुंतवणूक वाडटली. सशक्त मध्यमवर्ग म्हणल्यार सशक्त भारत अशी प्रतिक्रिया मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी दिली.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणा खाला अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण हांणी सादर केल्ल्या विकसीत भारत 2025

अर्थसंकल्पाक हांव पुराय मनान येवकार दितां अशें मुखेलमंत्र्यांनी सांगलें. ह्या अर्थसंकल्पांत विकसीत भारताच्या चार विभागा खाला बायलां सशक्तीकरण, तरणाट्यांचें सशक्तीकरण, अन्न सुरक्षा आनी गरीब कल्याण साध्य करपा खातीर धा उदरगत उपायांची रुपरेखा दिल्या.. आमच्या सामुहीक यत्नांक लागून भारताक विकसीत भारत 2047 च्या दृश्टीकोना कडेन व्हरतले, अशी आस्त मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हाणी उक्तायली.

Rashmi 95

केंद्रिय अर्थसंकल्प सर्वसामान्य तशेंच उद्देग , शेती, देसाचो गावगिरो वाठार सशक्त करपाक आनी हेर मळांक घटमुट करपाच्या नदरेतल्यान तयार केला. खास करून गोंयच्या नुस्तेमार मळाक ह्या अर्थसंकल्पात केल्या लोजिस्टीक, गुदांव आनी आयता मळावेल्या तरतुदींखातीर फायदो जातलो अशें मत असोचेमचे गोवा राज्य अध्यक्ष मांगिरीश पै रायकार हांणी व्यक्त केला.

जाल्यार येनावळीचेर दिवपी कर थाकाय, म्हारगायाचेर नियंत्रण दवरपाक घेतिल्ले निर्णय, रोजगार संद वाडवप, देशाची जीडीपी वाडोवपाच्या नदरेतल्यान घेतिल्ले निर्णय सकारात्मक आनी देशाक उदरगतीच्या दिखेन वरपी आसात अशें मत नामनेचे अर्थतज्ञ आनी व्यवसायात चार्टड एकाअंटंन्ट वासुदेव प्रभु वेल्लेकार हांणी म्हणला.हो अर्थसंकल्प सामान्य मनाशाक मतीत दवरुन तयार केल्याचे तांणी ह्यावेळार म्हणला.byte

Sushant 100

हो अर्थसंकल्प शेती, ल्हान आणि मध्यम उद्योग, गुंतवणूक आणि निर्यात या चार गजालींचेर केंद्रित आसा. सूक्ष्म, ल्हान आणि मध्यम उद्योगांच्या वर्गीकरणातले बदल या क्षेत्राची वाढ जावपाक मदत करतले अशी प्रतिक्रिया असोचॅम गोवा या उद्योजकांच्या संघटनेचे सह-अध्यक्ष डॉ. सागर साळगावकार हाणी उक्तायली. शिक्षणाखातीर ५०० कोटी रुपयांची खास तजविज, एआयखातीर उत्कृष्टता केंद्रां स्थापन करप, ल्हान आणि मध्यम उद्योगांखातीर निर्यात प्रोत्साहन परिषद, २ टियर शारामदी ग्लोबल कॅपॅसिटी सेंटर्स स्थापन करप खातीर आराखडो आणि स्टार्ट अपखातीर गॅरंटी कव्हरसयत भांडवल उपलब्ध करपा खातीर लक्षणीय वाढ करणे हे प्रस्तावित उपक्रम लेगीत कौतुक करपा सारखे आसात जे उद्योगिक विकासाक आनिक चालना दितले अशें साळगावकार हाणी म्हळे.

Sushant 110

गोयच्या कला व संस्कृतीची गिरेस्त परंपरा जपुन दवरप गरजेचे आसा, अशी प्रतिक्रिया शिंपणावळ मंत्री सुभाष शिरोडकार हाणी उक्तायली.

नॉलेज टर्मिनस हे संस्थेन मडगावच्या रवींद्र भवनात घडोवन हाडील्ल्या दोन दिसांच्या परिक्रमा 0.7 या सांस्कृतिक उत्सवाचे उक्तावण केले उपरांत ते उलयताले. या वेळार फातोड्डेचे

आदले आमदार दामोदर नाईक, मडगावचे नगराध्यक्ष दामोदर शिरोडकार, पोलीस अधीक्षक सुचेता देसाय आणि हेर मानेस्त हाजीर आसले.

गोयचे कलेत एक प्रकारचो गिरेस्त असो सुगंध आसा. ही गिरेस्तकाय आणि सुगंध जगभर पातळावपाची जबाबदारी युवकांचेर आसा अशे शिरोडकार हाणी सांगलें. ह्या वेळार शिरोडकार हाणी सर्तक कलाकारां वांगडा धोल वाजोवपाचोय आनंद घेतलो. तांका शामेळाचेर दामोदर नाईक आणि दामोदर शिरोडकार हाणी सांगात केलो.

ह्या दोन दिसांच्या सांस्कृतिक उत्सवात महाविद्यालयांतल्या विद्यार्थ्यांचो आसपाव आसा. वेगवेगळे कला प्रकार ह्या वेळार सादर केले.

Rajashri 140

रवींद्र भवनाच्या मुख्य प्रवेश दाराकडचे कारंजे ५८ लाख रुपया खर्चुन दुरुस्त केला ताचे उद्घाटन मडगावचे आमदार दिगंबर कामत हांच्या हस्तुकी जाले. या वेळार रवींद्र भवनाचे अध्यक्ष राजेंद्र तालक, उपाध्यक्ष मनोहर बोरकर, भवनाच्यो कार्यकारी

समितीतली सदस्य आनी कर्मचारी उपस्थित आशिल्ले. मडगावच्या रवींद्र भवनाचे उदघाटन जुलै २००८ वरसा जाल्ले. तेन्ना रवींद्र भवनच्या मुख्य प्रवेश दाराकडे आनी भीतर संलग्नक इमारतीसमोर, अशे दोन कारंजे लांबलेले. मात हे

कारंजे अधूनमधून बिघडत आसतात. गेल्या १५ वर्षांपासून हे कारंजे दुरुस्त करप आनी उपरांत बिघडप चालू आशिल्ले. इमारतीसमोर कारंजाची दुरुस्ती करुन तो सुरू केल्लौ. तेन्ना २५ लाखांचो खर्च जाल्लो. हे कारंजे लोकांखातीर आकर्षण थारतल अशे कामत हांणी सांगले. मडगावच्या रवींद्र भवनचे चडानचड दुरुस्तीचे काम पूराय जाला आनी काय मोजकीच कामा पूर्ण जावपाच्या मार्गार आसात. संलग्न इमारतीसंदर्भात जो घोळ आशील्लो तो सोडयला एकदा संलग्न इमारतीचे व्यवहार पूर्ण जाले की थंय सांस्कृतिक वामनरीजवण सुविधा उपलब्ध करतले ज अशे राजेंद्र तालक हांणी सांगले

Rajashri 100

गोवा सारस्वत समाजातर्फे आयोजित सारस्वत अन्न आणि संस्कृती महोत्सवाक यावेळार युवा उद्येजकता कल्पकता या सर्तीची जोड दिल्या. तरणांट्यांच्या उद्येजकता कल्पनांक वाव दिवपाची खास स्पर्धा आयोजित केल्या. ७ तारखेक उद्घाटन जातले. गोवा सारस्वत समाजाचे अध्यक्ष डॉ. देश प्रभुदेसाई हांणी पत्रकार परिषदेत ही माहिती दिली. तरुण वर्गाकडच्यान उद्योग क्षेत्रात नव्यो नव्यो कल्पना मुखार येवचो हो या उद्देश आसा. ही सर्त पळोवपाक गोयातले नामांकित उद्योजकांक आमंत्रित केल्यात. कांय स्टार्ट अप प्रकल्प मुखार येऊंक शकतले काय? हे हातून पळयतले.२५ वर्षा पर्यंत आणि

२५ वर्षांवयर अशा दोन गटात हो महोत्सव ७ ते 9 फेब्रुवारी या कालावधीत मडगाव एसजीपीडीएच्या मैदानार जातलो. यावेळार वेगवेगळे खाद्यपदार्थांसयत सांस्कृतिक कार्यक्रमांची मेजवानीय उपस्थितांक मेळतली.

Rajashri 120

राज्य सरकारच्या विविध खात्यांत कंत्राटी पद्धतीन काम करप्यांक न्याय दिवपाक कर्मचारी, कामगार संघटना तशेच राजकीय पक्षांनी हालचाली सुरू केल्या . सर्वोच्च न्यायालयान हालीच दिल्या एका आदेशाचो संदर्भ दित हाका लागुन प्रयत्न सुरू केल्यात.सर्वोच्च न्यायालयान हालीच एक महत्त्वपूर्ण निर्णय दित अशे स्पष्ट केला की, सरकारी खात्यांतली नियमित पदा भरपाक कंत्राटी पद्धतीन थंय काम करपी कर्मचाऱ्यांक पयस करपाक मेळचे ना. तांका नोकरीखातीर संधी मेळुंक जाय. या निर्णयाक लागुन खुपशा राज्यांतले कंत्राटी कर्मचाऱ्यांक व्हड थाकाय मेळपाची शक्यता आसा.